**सवाय धान्य दुकानांतल्यान धान्य वितरणाक कळाव जावपाची अपेक्षा**
**नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याची कळोवणी**

ता. 6 फेब्रुवारी 2025

सवाय धान्य दुकानांतल्यान भौशीक धान्य वितरणाचो लाव घेवपी गोंय राज्यांतल्या रेशन कार्डधारकांक कळीत करपात येता की, चालू फेब्रुवारी, 2025 म्हयन्यात राज्याक वेळेच्या मर्यादेभीतर धान्याचो कोटा मेळपाक अडचण जावपाक शकता. भारतीय अन्न म्हामंडळ/एनआयसी पांवड्यार सप्तका परस चड काळ संगणक वेवस्था आनी नेटवर्क सर्व्हर यंत्रणेत आकस्मिक तांत्रिकी अडचण निर्माण जाल्ल्यान हो विलंब जाला.

वयल्या समस्येक लागून धान्य वितरणाक आयिल्ली अडचण जाग्यार घालपाक नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यावतीन सगलें प्रयत्न चालू आसात. सध्या तांत्रिकी अडचण सुटावी जाल्ली आसून 5 फेब्रुवारी सावन धान्याची येरादारी सुरू जाल्ली आसा.

सवाय धान्य दुकानांतल्यान रेशन कार्डधारकांक वेळार धान्य पुरवण करपा खातीर खात्यावतीन शक्य आसा ते सगलें प्रयत्न करपात येता. कांय सवाय धान्य दुकानांतल्यान प्रत्यक्ष धान्य वितरणाक 5 ते 6 दीस कळाव जावपाक शकता.

सवाय धान्य दुकानांतल्यान भौशीक धान्य वितरणाचो लाव घेवपी गोंय राज्यांतल्या सगल्या रेशन कार्डधारकांनी ह्या विलंबाची नोंद घेवची आनी आपलो फेब्रुवारी म्हयन्याचो धान्य कोटा व्हरपा खातीर शक्यतो 10 फेब्रुवारी उपरांत संबंदीत सवाय धान्य दुकानात भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/122

--
---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.